| | |
|---|---|
| 29.05.2025 | @ 7.20 pm |

## आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा

केंद्र सरकाराच्या capital investment scheme वरवी गोंयात पर्यटनाचे वेगवेगलया प्रकल्पांक सध्या मंजुरी मेळळ्या अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.
वेंचणूक आयोगान 4 राज्यांतल्या 373 तळागाळांतल्या वेंचणूक अधिकाऱ्यांक प्रशिक्षण दिवपाक सुरवात केल्या.
गोंय घटक राज्य दिसा निमतान गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गोंयकारांक परबीं दिल्यांत.
गोंयच्यान भायर सरून 'नाविका सागर' परिक्रमा II मोहिमे वरवी २३८ दिसांच्या ऐतिहासिक प्रवासा उपरांत परतलेल्या आयएनएसव्ही तारिणी आणि तिचे धाडसी क्रू दोन बायल अधिकारी - लेफ्टनंट कमांडर दिलना के आनी लेफ्टनंट कमांडर रुपा ए हांचे स्वागत करपाक पूराय देश सज्ज जाला .

रश्मि 160

केंद्र सरकाराच्या capital investment scheme वरवी गोंयात पर्यटनाचे सुमार 400 कोटी रुपयाच्या वेगवेगलया प्रकल्पांक सध्या मंजुरी मेळळ्या अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या. पर्वरी टावन स्केवर आनी फार्मागुडयेर छत्रपती शिवाजी म्हाराज डीजीटल म्युझियम हे दोनय प्रकल्प हया येवजणे वरवीच जातले अशी म्हायती मंत्र्यान पणजे पत्रकार परीशदेत दिल्या. काल जाल्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत मंजूरी मेळिलया पैकी पर्वरीत 120 कोटी रुपया पर्वरी टावन स्केवर प्रकल्प, तशेंच पर्वरी क्रिकाचे कामाखातीर 22 कोटी रुपया आनी फार्मागुडी 64 कोटी रुपयाचो छत्रपती शिवाजी म्हाराजाचो डीजीटल म्युझियम बांधपाच्या प्रकल्प आसपवतात. गोंयच्या मान्सुन पर्यटनाची नवी तासा पर्यटकांमुखार दवरपाक पर्यटन खात्यान वेगवेगळे उपक्रम चालीक लायल्यात अशीय म्हायती हयावेळार मंत्री खवटे हांणी दिल्या.तशेंच पावसाच्या काळात उदकाच्या सुवातीनी वयतना सादुर रावुन

तशेंच वच्चे , जीवघेणे रिस्क घेवन अशा तल्याचेर  वच्चे न्ही अशेंय आवाहन तांणी केला.

इतले मजगती काय एजन्टस पर्यटन खात्याचो रितसर परवानो घेनासतना वेव्हार करता अशे पर्यटन खात्याच्या नदरेक आयल्या पर्यटन खात्यान आयज  online travel agents नी  ह्या १५ दिसाभितर goa registeration of tourist trade act 1982 प्रमाण नोंदणी सक्तीची आसा  असो आदेश काडला.

EC 190

वेंचणूक आयोगान 4 राज्यांतल्या 373 तळागाळांतल्या वेंचणूक अधिकाऱ्यांक प्रशिक्षण दिवपाक सुरवात केल्या. नवी दिल्लींतल्या इंडिया इंटरनॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डेमोक्रेसी अँड इलेक्शन मॅनेजमेंट (IIIDEM हांगा आयज बूथ लेव्हल ऑफिसर्स (बीएलओ) सुपरवायझरां खातीर प्रशिक्षणाचे आठ गट सुरू जाले. भारताचे मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी प्रशिक्षण कार्यावळींत उलोवप केलें, तातूंत छत्तीसगढ, हरियाणा, मध्य प्रदेश आनी उत्तर प्रदेशांतले बीएलओ, बीएलओ सुपरवायझर, वेंचणूक नोंदणी अधिकारी हांचो आस्पाव आशिल्लो. हो सगळ्यांत व्हडलो गट आसा. तशेच ,नवी दिल्लींतल्या वेंचणूक आयोगान फाटल्या दोन म्हयन्यांत 3,720 वयर क्षेत्र अधिकाऱ्यांक प्रशिक्षण दिलां.लोक प्रतिनिधीत्व कायदो, 1950, 1951, मतदार नोंदणी नेम, 1960, वेंचणूक आचरण नेम, 1961 आनी वेंचणूक आयोगान वेळावेळार जारी केल्ल्या सुचोवण्यां प्रमाण वेंचणूक खरपणान चलची हे खातीर हे प्रशिक्षण कार्यावळी गरजेचे आसात अशें मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी उक्तावण उलोवपांत सांगलें. 6 ते 10 जानेवारी 2025 मेरेन खाशेले सारांश पुनरावलोकन SSR सराव पुराय जाले उपरांत छत्तीसगढ, हरियाणा, मध्य प्रदेश आनी उत्तर प्रदेशांतल्यान कसलेंच अपील दाखल करूंक ना सहभागी लोकांची वेव्हारीक समजूत वाडोवपा खातीर प्रशिक्षण तयार केलां, खास करून मतदार नोंदणी, फॉर्म हाताळप आनी वेंचणूक प्रक्रिया शेतकी पांवड्यार चालीक लावप,  आयटी साधनां विशीं वेव्हारीक प्रशिक्षण तशेंच

अधिकाऱ्यांक ईव्हीएम आनी VVPAT चेर प्रशिक्षण दितले, तातूंत तंत्रीक निदर्शनां आनी मॉक पोल हांचो आस्पाव आसतलो.

DIP 120

गोंय घटक राज्य दिसा निमतान गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गोंयकारांक परबीं दिल्यांत. आमच्या सोबीत गोंय राज्याच्या 39व्या घटक राज्य दिसाच्या इतिहासीक निमतान हांव गोंयकारांक हार्दिक शुभेच्छा व्यक्त करता आपल्या संदेशांत मुख्यमंत्र्यांन म्हणला. 30 मे 1987 दिसा गोंयाक घटक राज्यचो दर्जो मेळ्ळे उपरांत लोकांचें बऱ्याच काळासावन आशिल्लें सपन खऱ्या अर्थान लोकशाय पद्दतीन वेवस्थीत पुराय जालें. घटक राज्यक लागून गोंयाक एक वेगळें व्यक्तिमत्व मेळ्ळें. गोंयच्या फुडारी, स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांनी आनी गोंयच्या लोकांनी राज्याचो दर्जो गोंयाक मेळचो हे खातीर खूब यत्न केले. ह्या दिसा गोंयच्या स्वातंत्र्याच्या संघर्शांत आपलो जीव बळी दिल्ल्या लोकांच्या त्यागाचो आमी उगडास करतात आनी मान दितात अशे तांनी म्हणला. गोंय राज्यान उदरगतीच्या वेगवेगळ्या मळार तोखणायेची प्रगती केल्या. गोंय स्वयंपूर्ण करपा खातीर सरकारान जायते उपक्रम सुरू केल्यात अशे तांनी मुखार संदेशांत म्हणला

DIP 200

39व्या गोंय घटक राज्य दिसाचो राज्य पातळेवेळो कार्यक्रम 30 मे क सकाळीं 11 वरांचेर पणजेच्या कला अकादमीच्या दीनानाथ मंगेशकर कला मंदिरांत जातलो. ह्या कार्यावळीक मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, प्रोटोकॉल राज्यमंत्री माविन गुडिन्हो, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फल्देसाय, भारत सरकाराच्या शिक्षण मंत्रालयाची संयुक्त सचीव एस. अर्चना अवस्थी, आनी हेर मानेस्त आसतले. ह्या निमतान राज्याचे अर्थीक उदरगती खातीर आनी गोंयची अस्मिताय तिगोवन दवरपा खातीर वावर केलया गोंयच्या नामनेच्या व्यक्तींचो भोवमान जातलो. तातूंत बिगफुट लोटली, कॅफे तातो पणजी, गोमंत विद्या निकेतन मडगांव, पॉल जॉन डिस्टिलरीज कुंकली, झांटये काजू, दिवचल, डांगी ऑप्टिशियन मापसा, मावझो फोटो स्टुडिओ मडगांव, डॉ कार्मो ग्रासियास हॉस्पिटल मडगांव, टिटोस बागा आनी

सागर नायक मुले फोंडा हांचो आस्पाव जाता. उल्हास न्यू इंडिया साक्षरता कार्यावळी खाला गोंय पुराय साक्षर राज्य जाहीर करतले आनी राज्या खातीर हो एक म्हत्वाचो खीण थारतलो. ह्या निमतान मुख्यमंत्री गोंय ह्या दिसा निमतान 'गोवा-भूतकाळ आनी वर्तमान' नांवाच्या दुर्मिळ फोटो प्रदर्शनाचें उक्तावण करतले. अभिलेख खात्याची 'भारत है हम' ही वेब मालिकाय ह्या वेळार सुरू जातली. हाचे भायर तीन पुस्तकां - गोंयचीं देवळां, 'गोमंतकिय दुर्गांच्या मार्गाचेर' आनी 'विकास मार्ग: गोंयची सुदारणा आनी नवीकरणाचो प्रवास ह्या या तीन पुस्तकांचे प्रकाशन जातले.

गृह खात्याच्या सीएफएफ आनी कार्मिक खात्याचे अनुकम्पा येवजणे खाला प्रायोजकता पत्रां गोंय राज्यत्व दीस उत्सवा वेळार लावाथ्र्यांक वांटून दितले. तशेच राज्याक स्वयंपूर्ण करपाच्या प्रयत्नांखतिर स्वयंपूर्ण गाव आणि स्वयंपूर्ण मित्रांचो ह्या निमतान भोवमान जातलो

महेश 155

गोंयच्यान भायर सरून 'नाविका सागर' परिक्रमा II मोहिमे वरवी २३८ दिसांच्या ऐतिहासिक प्रवासा उपरांत परतलेल्या आयएनएसव्ही तारिणी आणि तिचे धाडसी क्रू भारतीय नौदलाची दोन बायल अधिकारी - लेफ्टनंट कमांडर दिलना के आनी लेफ्टनंट कमांडर रुपा ए हांचे स्वागत करपाक पूराय देश सज्ज जाला . ही 'अतिक्रमक घटना' सागरी नौकानयन इतिहासातलो एक महत्त्वाचो पांवडो आसा कारण भारतीय बायलांनी जगाची प्रदक्षिणा केल्या. ह्या २३८ दिसांच्या प्रवासांत वीस फूट उंचायेचीं ल्हारां वण्टीं भशेन आमचेर धपको दितना पळयली आनी त्याच वेळार दर्या आरशा सारको निवळ दिसलो . ह्या निमाण्या कांय दिसांनी आमी आमचे सात जल्म जियेले अशें दिसतालें अशे लेफ्टनंट कमांडर रुपा ए हानी सांगले. ह्या कठीण प्रवासांत आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान संरक्षण मंत्र्यान आमची केलेली विचारपूस पलोवन आमकां खूब थाकाय आनी आत्मविस्वास मेळ्ळो. दर्याच्या अथांग शक्तीन आमकां परत एक फावट नम्र आनी विद्यार्थी केलें अशे लेफ्टनंट कमांडर दिलना के हानी सांगताना जमनी

थावन दर्यांतलो सगळ्यांत पयस आशिल्ल्या पॉयंट निमो हांगा आसतना योगायोगान आपलो लग्नाचो वाड दिस आशीललो अशे सांगले .

सुशांत 85

मडगावच्या रवीन्द्र भवनान तीन दिसांचो श्याम बेनेगल फिल्म महात्सव घडोवन हाडला. फाल्या सांजवेळा ६ वरांचेर ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतीवंत साहित्यीक दामोदर मावजो हांचे हस्तुकीं उक्तावण जावपी ह्या तीन दिसांच्या फिल्म महोत्सवात बेनेगल हांच्या तीन नामनेच्या सिनेमांचे प्रदर्शन जावपाचे आसून त्याशिवाय मानेस्तांकडेन भासाभास जातली. फाल्यां त्रिकाल ह्या गाजिल्ल्या सिनेमाचे प्रदर्शन जातले. ३१ मे क सरदारी बेगम चित्रपटा उपरांत हिंदुस्तानी शास्त्रीय गायिका आरती अंकलीकर आनी नामनेचे संगीत दिग्दर्शक अशोक पत्की हांचेकडेन भासाभास जातली. १ जूनाक मम्मो सिनेमा आणि त्या उपरांत नामनेचे अभिनेते आनी दिग्दर्शक रजत कपूर हांचेकडेन भासाभास जातली.

सुशांत 50

वीजेच्या लायनींची दुरुस्ती आनी देखभाल करपाखातीर वीज खात्यान आयतार १ जुनाक पुराय दक्षिण गोंयात शटडाऊन घेवपाचे थारायिल्ल्यान साळावलीतल्या उदका पुरवण प्रकल्पाची वीज बंद आसतली. हे खातीर १ जून ह्या दिसा ह्या प्रकल्पातल्यान जावपी उदका पुरवण पुरायपणान बंद आसतली तर २ जूनाक मर्यादित उदका पुरवण आसतली अशें उदका खात्यान कळीत केला.

हवामान 20

गोंयांत खुपशा सुवतिनि दडकानी पावस पडतलो आनी वराक ४०-५० किमी वेगान व्हावपी वाऱ्यांचो वेग 50 किमी इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला